आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरो

19.03.2025 @ 6.30

राय 75

सरकारान आतंकवादाआड़ शून्य सहिश्णुताय धोरण आपणायिल्ल्यान देशांत आतंकवादी घटनांत लक्षणीय उणाव आयला अशेआयज राज्यसभेंत एका पुरवणी प्रस्नाक जाप दितना गृह राज्यमंत्री नित्यानंद राय हांणी सांगलें. सरकारन राष्ट्रीय तपास यंत्रणे (एनआयए) क देशाभायरय  दहशतवादी घटना आणि कारवायांची चौकशी करणक अधिक अधिकार घटमूट केल्या. लंडनांतल्या भारतीय उच्च आयोग आनी सॅन फ्रांसिस्कोंतल्या भारतीय वाणिज्य दूतावासाचेर जाल्ल्या हल्ल्या संबंदीत घडणुकेची चवकशी एनआयए करता अशें तांणी सांगलें. देशांतल्यान आतंकवाद

जितेंद्र 95

भारत अंतरिक्ष केंद्र नांवाचें स्वताचें अंतरिक्ष केंद्र स्थापन करपाची येवजण भारतान आंखल्या आनी सगळयो येवजण्यो व्यवस्थित जाल्यो जाल्यार 2040 मेरेन भारतीय अंतराळवीर चंद्राचेर पावतलो अशे प्रधानमंत्री कार्यालयांतले राज्यमंत्री डॉ. जितेंद्र सिंग हाणी आयज लोकसभेंत पुरवणी प्रस्नांक जाप दितना सांगलें. चांद्रयान-४ हे दोन प्रक्षेपण वाहनां वरवी प्रक्षेपित करतले आणि तातूंत  पाच घटक आसतले अशे तांणी सांगले. वेंचून काडिल्ल्या चार गगनयान अंतराळवीरांक जनतेच्या नजरेपासून कित्याक  पयस दवरल्यात ह्या प्रस्नाक जाप दितना तांचें  लक्ष विचलित जावंचे न्हय म्हणून हे अशें केलां अशें तांणी सांगले . तशेंच बायल रोबोटसयत गगनयानची चाचणी उड्डाण या वर्षाच्या अखेरीक  सुरू करतले अशें तांणी सांगलें.

नासा 160

क्रू ९ मोहिमेची सुरक्षीतपणान धर्तरेचेर परतप सुनिश्चित करपा खातीर अथक परिश्रम करपी नासाच्या प्रयत्नांचे पुराय पंगडाक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी परबीं दिल्या. भारताची कन्या सुनीता विल्यम्स आनी तिच्या तिच्या  सहकारी अंतराळवीरांनी तांच्या  चिकाटी, समर्पण

आणि केन्नाच हार न मानपी भावनेन सगळ्यांक प्रेरणा दिलया अशें राष्ट्रपती मुर्मू हाणी सोशल मिडियाचेर पोस्टांत म्हणलां.

क्रू 9 मोहिमेचे सुरक्षीतपणान धर्तरेचेर परत येवपा खातीर अथक परिश्रम घेवपच्या यत्नांक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी परबीं दिल्या आनी ताची तोखणाय केल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान सांगलें की, सुनीता विल्यम्स आनी क्रू 9 अंतराळवीरांनी परत एक फावट चिकाटीचो खरो अर्थ कितें तें संवसाराक दाखयलां. तशेंच ही तांची धैर्य, संयम आणि अमर्याद मानवी आत्म्याची परीक्षा अशें ताणें सांगलां. विशाल अज्ञाता मुखार आपलो दृढनिश्चय लाखो लोकांक कायम प्रेरणा दितलो अशें मोदी हांणी सांगलें.

सुनीता विल्यम्स हांची वृत्ती आनी यत्नक अधोरेखित करताना, सुनीता विल्यमसान आपल्या पुराय कारकिर्दींत हे वृत्तीची देख दिल्या अशें मोदी हांणी सांगलें. अंतरिक्ष संशोधन म्हणल्यार मानवी क्षमतेच्यो मर्यादा हुपप, सपन पळोवपाचें धाडस करप आनी तीं स्वप्न प्रत्यक्षात हाडपाचे धाडस करप आसा अशेंय तांणी मुखार म्हणला.

जयशंकर 90

परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या रायसीना संवाद 2025 त राश्ट्रीय सुरक्षा आनी वेवसायीक निर्णयांचें वाडट्या एकत्रीकरणाचेर भाशण केलें. जागतीक अर्थीक धोरणांतल्या बदलांचेर भर दितना. आयज संवसार राश्ट्रीय सुरक्षेक प्राधान्य दिवन वेवसायीक निर्णय घेता, अशें डॉ जयशंकर हांणी सांगलें. आतां देश फकत किफायत शीरते परस सुरक्षीत आनी विस्वासु भागीदारीक प्राधान्य दितात हाचेरय तांणी भर दिलो.

भारताच्या वेपारी वाटाघाटीचेर भासाभास करतना भारत सध्या युरोपियन युनियन, ब्रिटन आनी अमेरिके कडेन तीन व्हड वेपारी वाटाघाटी करता अशें डॉ जयशंकर हांणी सांगलें. हे भारताचे वाढीचे बाजारपेठ, तंत्रगिन्यान आनी धोरणात्मक भागीदार अशें तांणी फुडें सांगलें.

नड्डा 95

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री आनी भाजपाचे अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा हांणी आयज नवी दिल्लींत बिल अँड मेलिंडा गेट्स फावंडेशनाचे संस्थापक बिल गेट्स हांची भेट घेतली. ह्या भेटी वेळार नड्डा हांणी भलायकी वेवस्था घटमूट करपाक आनी प्रभावी उपक्रम चालीक लावपाक फावंडेशनान दिल्ल्या मोलादीक आदाराची तोखणाय केली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत नड्डा हांणी सांगलें की, भारतान भलायकी जतनाय, खास करून माता भलायकी, लसीकरण आनी नितळसाण हांचे मळार फावंडेशनाच्या आदारान केल्ल्या उल्लेखनीय प्रगतीचेर चर्चा केल्या. सगळ्या नागरिकांक परवडपी, सुलभ आनी दर्जेदार भलायकी सेवा सुनिश्चीत करपा खातीर सामायिक वचनबद्धते खातीर दोनूय वटांनी सहकार्य कबलातीचें नुतनीकरण करपाक उत्सुक आसात आशे ताणी सांगले

भीम-110

कमी खर्चाच्या भीम-यूपीआय वेव्हाराक चालना दिवपा खातीर सरकारान आयज प्रोत्साहन येवजणेक मान्यताय दिल्या. ही येवजण अदमाशी 1500 कोटी रुपया खर्च करून राबयतले. आयज नवी दिल्लींत मंत्रीमंडळाच्या निर्णयां विशीं प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, की हे येवजणे वरवीं ल्हान वेपाऱ्यांक कसलोच अतिरिक्त खर्च कर नासतना यूपीआय सेवांचो लाव मेळटलो. 2 हजार रुपया मेरेनच्या वेव्हारा खातीर दर वेव्हाराच्या मोलाक 0.15 टक्के दरान ल्हान वेपाऱ्यांक प्रोत्साहन दितले अशें तांणी सांगलें.

2024-25 आनी 2025-26 वर्सां खातीर वाढीव तरतुदी सयत सुदारीत राष्ट्रीय गोकुल अभियान चालीक लावपाक सरकारान मान्यताय दिल्या अशें वैष्णव हांणी सांगलें. हे येवजणे वरवीं दुदाचें उत्पादन आनी उत्पादकतेत लक्षणीयरीत्या वाड जातली, जाका लागून शेतकारांचें उत्पन्न वाडटलें अशें तांणी सांगलें.